## मुख्यमंत्र्यान कुंकळ्ळीच्या नायक हुतात्मा स्मारकाचेर श्रद्धांजली ओपली

ता. 15 जुलय 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कुंकळ्ळी हांगाच्या नायक हुतात्मा स्मारकाचेर भावपूर्ण श्रद्धांजली ओपली. सरकारान 15 जुलयाक नायक हुतात्मा दीस जाहीर केला.

भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. निलेश काब्राल, पुरातत्व आनी पुराभिलेख खात्याचे मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय, कुंकळ्ळीचे आमदार श्री. युरी आलेमाव, नावेलीचे आमदार श्री. उल्हास तुयेंकर आनी हेर मानेस्तांनी हुतात्मा स्मारकाचेर श्रद्धांजली ओपली.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, की मुक्ती चळवळीच्या इतिहासाचो उगडास करून दिवपी राज्यांतल्या सगळ्यां हुतात्मा स्मारकांचो सांबाळ करतले. आझादी का अमृत महोत्सवाचो भाग म्हूण राज्य सरकार स्वातंत्र्यताय दिसा राज्यांतल्या सगळ्यां हुतात्मा स्मारकांचेर खास श्रद्धांजली ओपतले, अशेंय तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्र्यान फुडें सांगलें, 1583 वर्सा पोर्तुगीज सत्तेआड 16 नायकांनी केल्ल्या बंडाक मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात व्हड म्हत्व आसा. देशांत परकीय सत्तेआड जाल्लो हो पयलोच बंड आशिल्लो. ह्या बंडातल्यान लोकांक मुक्ती चळवळीखातीर उर्बा मेळ्ळी. अशा इतिहासीक चळवळीची म्हायती फुडल्या पिळगेक करून दिवपाची गरज आसा आनी त्या खातीर सरकारान 15 जुलय हो नायक हुतात्मा दीस पाळपाचो निर्णय घेतला.

आयज नवी दिल्ली हांगाच्या राष्ट्रीय हुतात्मा स्मारकाचेरय नायक हुतात्मा दीस मनयलो. केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी राष्ट्रीय हुतात्मा स्मारकाचेर श्रद्धांजली ओपली, अशीय म्हायती मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार दिली.

पुरातत्व आनी पुराभिलेख खात्याचे मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय आपल्या उलोवपात नायक हुतात्मा दीस जाहीर करून तो राज्य पांवड्याचेर मनोवपाचो निर्णय घेतिल्ले खातीर मुख्यमंत्र्याचे अभिनंदन केले. गोंयच्या लोकांक आनी खास

करून नव्या पिळगेक 1583 च्या कुंकळ्ळी बंडाची म्हायती करून दिवपाखातीर बंडाचेर लघूपट तयार करपाची गरज तांणी उक्तायली. तांणी नायक हुतात्मा स्मारकाची सुदारणा करपा खातीर सहकार्य करपाचेय ह्या वेळार उतर दिले.

आमदार श्री. युरी आलेमाव हांणी कुंकळ्ळी बंडाचो इतिहास सांबाळून दवरपाची गरज उक्तावन नायक हुतात्मा दीस राज्य पांवड्याचेर मनोवपाचो निर्णय घेतिल्ले खातीर मुख्यमंत्र्याची अभिनंदन केले.

ह्या वेळार चिफटेन्स मेमोरियल ट्रस्टावतीन कुंकळ्ळी भुषण, कुंकळ्ळी श्री, कुंकळ्ळी ज्योती आनी कुंकळ्ळी मित्र पुरस्कार भेटोवन अनुक्रमे आदले मंत्री आरेसियो डिसौझा, आदले आमदार राजन नाईक, मिनिनो डायस, फ्रॅडी मास्कारेन्हस, निवृत्त एसपी अरविंद गावस आनी तिलरॉय हांचो सन्मान केलो.

कुंकळ्ळी नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष डॉ. लक्ष्मण नाईक, दक्षीण गोंयचे जिल्हाधिकारी श्रीमती ज्योती कुमारी, पुलीस म्हासंचालक श्री. यशपाल सिंग, चिफटेन्स मेमोरियल ट्रस्टाचे अध्यक्ष ऑस्कर मार्टिन आनी हेरांनीय हुतात्मा स्मारकाचेर श्रद्धांजली ओपली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/466

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji